**कांपालार 9 ते 11 जानेवारी मेरेन अक्वा गोवा मेगा फिश फेस्टिव्हलाचे आयोजन**

ता. 2 डिसेंबर 2025

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 9 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन कांपाल मैदानाचेर अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. गोंयचे विद्यार्थ्यी आनी सर्वसामान्य लोकांक नुस्तेंमारी वेवसाया संबंदीत शिक्षणीक आनी तंत्रज्ञानाचो अणभव करून दिवपा खातीर दर वर्सा विशेश पद्दतीन हो महोत्सव आयोजीत करतात. महोत्सवात वेगवेगळ्या जातींचे नुस्तें आनी सागरी जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत विंगड विंगड सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर करमणूक कार्यक्रमांचे आयोजन करतले.

नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान मागला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/928

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.